***नितळ आनी बरी  प्रतिमा राखपाक जनसंपर्क म्हत्वाचो - राज्यपाल श्री. पिल्लई***

ता. 17 सप्टेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज हॉटेल फर्न कदंब रायबंदर हांगा पब्लिक रिलेशन्स कौन्सिल ऑफ इंडिया (पीआरसीआय),पॅन-इंडिया प्रोफेशनल कौन्सिल हांणी आयोजीत दोन दिसांच्या 15 व्या ग्लोबल कम्युनिकेशन कॉन्क्लेव्हचे उक्तावण केले. "नवीन दशकात दळणवळण- मेगा ट्रेंडचे मॅपिंग" अशी ह्या कॉन्क्लेव्हची संकल्पना आसा.

ह्या वेळार उलयताना राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हणले, एरिस्टॉटल हांच्या मताप्रमाण "मनीस  स्वभावान एक समाजप्रिय प्राणी आसा आनी जर तशें आसत जाल्यार  जो प्रत्येक दादलो आनी बायल  समाजीक आशिल्ल्याचेर विश्वास दवरता ताकां जनसंपर्क आनी दळणवळण आपल्या जीणेचो  एक भाग करचो पडटलो. ही  संकल्पना प्राचीन काळासावन  एक ना दुसऱ्या खंयच्या तरी स्वरूपात अस्तित्वात आसा. भारताक  प्राचीन काळासावन जनसंपर्काची समृद्ध परंपरा आसा. चाणक्यनिती आनी हेर इतिहासीक नोंदींनी जनसंपर्क आनी दळणवळणा संदर्भात अनेक उदाहरणां आसात, अशें तांणी म्हणले.

तांणी म्हणले, फाटल्या शेकड्यांनी  वर्सांत जनसंपर्क आनी दळणवळण अदीक उपचारीक, संस्थात्मक आनी वेवसायीक जाल्ले आसा. जनसंपर्क म्हळ्यार समाजात नितळ प्रतिमा आनी बरेपण राखप आनी ते व्यक्ती, संस्था आनी वेवसायाक तशेंच सरकारी क्षेत्राक  लागू जाता.  एक बरो पीआर दोनीय वटेन  एकमेकांक समजून घेवपाक आनी परस्पर सौहार्द आनी एकमेकांविशी आदर वाडोवपाक मदत करपाक सक्षम आसपाक जाय.  जाल्यार दुसरे वटेन एक असक्षम पीआर संघर्ष वा असंतोष निर्माण करपाक शकता, अशें तांणी म्हणलें.

श्री पिल्लई हांणी फुडे म्हणले, आमच्या देशात अशें लाखांनी युवक आसात जांचे कडेन संवाद कौशल्य नाशिल्ल्यान तांचो व्यक्तिमत्त्व विकास जावपाच्या क्षमतेत आडखळ येता. व्यक्तिगक विकास कुशळटाय, नेतृत्व प्रशिक्षण, गिरायक सेवा आनी वादविवाद, चर्चा आनी हेर संबंदीत विशयांत वेव्हारीक प्रशिक्षण दिवपाखातीर तज्ञ लोक काम करतात. राज्यपाल श्री पिल्लई हांणी लोकशाय समाजांत PRCI ची म्हत्वाची भुमिका आशिल्ल्याचे म्हणले.

ह्या वेळार राज्यपालां हस्तुकीं आजीवन यश, दशकातीलो संवाद, जनसंपर्क वेवसायिक, बरें प्रशासन आनी वेवस्थापन, पत्रकारिता, सर्वोत्तम तरुण संवादक, PRCI हॉल ऑफ फेम पुरस्कार, YCC कौटिल्य पुरस्कार अशें साबार पुरस्कार भेटयलें. राज्यपालांन पीआरसीआय आनी वायसीसीच्या चाणक्य आनी कौटिल्य मासिकांचेय प्रकाशन केले.

PRCI चे मुख्य मार्गदर्शक श्री एम.बी. जयराम हांणी येवकाराचे उलवप केले.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/773

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji